## गोंय विद्यापीठान प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 5 ऑगस्ट 2024

गोंय विद्यापीठान विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन संचालनालय, गोंय सरकार पुरस्कृत " सलीम अली पक्षी अभयारण्य, गोंय-सध्य परिस्थितीचो अभ्यास आनी अभयारण्यातल्या सुकण्यांची संपदा वाडोवपा खातीर उपाय" ह्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपा खातीर 1 प्रकल्प सहाय्यक पदाच्या जागे खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान साध्या कागदाचेर अर्ज मागयल्यात.

उमेदवार प्राणीशास्त्र/जीवशास्त्रात 60 टक्के गुणांसयत एमएससी उत्तीर्ण आसपाक जाय. फील्डवर्क आनी सुकण्यांच्या संपदेचो अभ्यास केल्याचो अणभव आसपाक जाय. म्हयन्याक 15,000/- रूपया ( एकत्रित ) पगार आसतलो. प्रकल्पाचो कालावधी तीन म्हयन्यांचो आसा.

इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपले अर्ज सीव्ही आनी आवश्यक दाखल्यां सयत मुखेल अभ्यासक डॉ. मिनल देसाय शिरोडकर हांका email: minal.desai@unigoa.ac.in चेर धाडचो. मुलाखत 9 ऑगस्ट 2024 दिसा दनपारां 12.00 वरांचेर प्राणीशास्त्र विभाग, स्कूल ऑफ बायोलॉजिकल सायन्सेस अँड बायोटेक्नॉलॉजी, गोंय विद्यापीठ, हांगा जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/366

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.